

अध्याय 2

# सादारण चित्र बदलप

हो अध्याय तुमकां सैमांतल्या चमत्कारांत बुडयतलो. हेर जिवीत प्रकारांतले जायते सोबीत आकार, रुपां, रंग, नमुने आनी पोत सोदून काडपा खातीर तुमी भायर सरतले. चित्ररेखांकन आनी चित्रकलेंतल्यान तुमी हे तपशील नोंद करपाक शिकतले.


तशेंच रंगाच्यो वेगवेगळ्यो सया आनी छटा तयार करपाच्या तंत्रा वांगडाच तुमचे स्वताचे सैमीक रंग तयार करपाची मनभुलोवणी प्रक्रिया शिकतले. हो अध्याय तुमकां सर्जनशील विचार करपाक आनी संवसाराकडेन पळोवपाची पद्दत बदलपाक प्रेरणा दितलो.

0680CH02



© NCERT not to be republished





## क्रिया 1: सैम भोंवडी

झाडां, वनस्पत, दोंगुल्ल्यो, झरे, दर्या, रेंव हांचे भोंवतणी आसतना तुमकां कशें दिसता? आपूण निसर्गांत भोंवता अशी कल्पना करून दोन ते तीन मिनटां सारचीं. कितें कितें दिसता? वेगवेगळ्यो गजाली तांकां हात लायल्यार कश्यो दिसतात? पांयां सकयल कितें दिसता? कितले पयस पळोवंक मेळटा? कितेंय हालता व्हय? कितें आयकूंक येता?

चार ते पांच विद्यार्थ्यांचे ल्हान ल्हान गट तयार करून आपली कल्पना एकामेकांक सांगची.

तुमचें रेखांकन पुस्तक आनी पेन्सील घेयात, आनी तुमच्या भोंवतणचो सोद घेवपा खातीर घरा भायर वचात.

1. मळबा वटेन पळयतकच ताची विशालता जाणवता. तुमकां दिसपी रंगांचें वा कुपांचें रूप लक्षांत घेयात.
2. जमनीर पळयात. मातयेचो रंग, विंगड विंगड तरेचे फातर, आनी ल्हान ल्हान सुळसुळीत फातरांचें निरिक्षण करचें. स्पर्श करून तांचो पोत जाणवता. तीं गुळगुळीत, खरखरीत, ओबडधोबड, दाणेदार वा हेर खंयच्याय पोताचीं आसात?
3. थोडी वनस्पत आनी झाडां आसात अशी सुवात सोदून काडात. वनस्पतीक हळूच हात लावन तांचीं पानां, कांडां, साली, फुलां, बियो आनी हेर खंयच्याय गजालीचो पोत जाणवता. ते पोत काडपाचो यत्न करात वा शब्दांतल्यान नोंद घेवपाचो यत्न करात.
4. पानांचे आकार, आनी तुमकां दिसपी रेशा आनी नमुने बारीकसाणेन पळयात. वेगवेगळे आकार, रेशा आनी नमुने आशिल्लीं तीन पानां काडात. तांच्या रंगांची नोंद करची.
5. खंयचेय प्राणी, सुकणीं वा किडे हांचें बारीकसाणेन निरीक्षण करचें. ते बसल्यात, न्हिदिल्ले आसात, उबे आसात वा हालतात? तांचें रूप काडपाचो यत्न करचो.

एका गटांत एकठांय येयात, आनी तुमचीं रेखाचित्रां आनी निरिक्षणां सांगात.

**चालू दवरप:** व्हिज्युअल जर्नल सुरू करात आनी तुमकां दिसपी वेगवेगळ्या गजालींचीं दर दिसा रेखाचित्रां तयार करात.

not to be republished © NCERT

## क्रिया 2: अभ्यास भोंवडी

संग्रहालय, कलाकार स्टुडिओ वा कलाकार काम करतात त्या खंयच्याय सुवातेर भेट दिवची. ह्या प्रस्नांचेर आदारीत तुमचीं निरिक्षणां नोंद करात:

1. खंयच्यो दृश्य कलाकृती दिश्टी पडटात?
2. कलाकृती तयार करपाक खंयचें साहित्य वापरतात?
3. कलाकार कोण? ते खंयचीं साधनां आनी तंत्रां वापरतात?
4. कलाकृती तयार करपा खातीर वा दाखोवपा खातीर जागेची वेवस्था कशी करतात?
5. तुमकां खंयच्यो नव्यो कल्पना वा अणभव मेळ्ळे?


तुमच्या स्वताच्या अणभवांतल्यान काडात वा तुमी संदर्भ म्हूण ह्यो प्रतिमा वापरूंक शकतात.











## क्रिया 3: सैमीक रंग करप

रंग खंयच्यान येतात हाचो विचार केन्ना केल्लो आसा? ते कशे तयार करतात? आमचे कडेन तयार केल्ल्या डब्यांत रंगीत पेन्सिल, क्रेयॉन, पेंट आसचे पयलीं कलाकार किते वापरताले?

खाल्ल्या जेवणाचो विचार करचो. घरांत दाळ शिजयल्यार ती चड हळडुवी करपाक कितें घालतात?

हळद! घरांत हाका तुमी तुमचे भाशेंत कितें म्हणटात?

आतां आपणें खाल्ल्या हेर जेवणांचो विचार करचो. तांचे कांय रंग तुज्या बोटांचेर, जिबेचेर आनी कपड्यांचेरय आपली छाप सोडटात.
तशेंच रंग काडपा खातीरय फुलांचो उपेग करूं येता.

वनस्पतीं वांगडाच माती, फातर आनी खनीज सांठे हांचे पसून लेगीत रंग तयार करूं येतात. ह्या प्रक्रियांचो उपेग लोक वेगवेगळ्या कलात्मक कामां खातीर रंग तयार करपा खातीर करतात.

तुमच्या जेवणांतलीं कांय फळां, भाजी, पानां आनी मुळांची वळेरी बरयात, जी कुसल्यार वा शिजयल्यार रंग दितात.

1. ______________________________

2. ______________________________

3. ______________________________

4. ______________________________

5. ______________________________






not to be republished © NCERT

## आमी आमचेच सैमीक रंग तयार करपाक शिकुया






कृती 1: माती, खनिजां, भाजीपालो, फुलां, फळां, मुळां, कोळसो आदी पसून कच्चो माल मेळयात. (देखीक काळो कोळसो आनी निळो लॅपिस लाझुली फातराच्यो प्रतिमा.)

कृती 2: सोर्स केल्ल्या रंगद्रव्यांचो बारीक चुर्ण करून अशुध्दी पयस करपा खातीर गाळटात..

कृती 3: चुर्णांत योग्य प्रमाणांत एक बाइंडर घालतात. हाका लागून रंग रंगयिल्ल्या पृश्ठभागाक चिकटून रावपाक मजत जाता. गम अरबी (बाबुल झाडाच्या सालीपसून मेळपी रोस), तेल, दूद, अंड्याचो धवो आनी अंड्याचो हळदुवो भाग हीं कांय सैमीक बांदणी आसात.

कृती 4: : तयार केल्लो रंग कलाकृतीक लायतात.





## क्रिया 4: सैमीक रंगांनी कलाकृती करची

**कृती 1:** धर्तरेवयल्यान वा वनस्पतींतल्यान कांय पदार्थ मेळोवचे..

**कृती 2:** रंग तयार करपाच्या प्रक्रियेचेर तुमच्या शिक्षक आनी समवयस्क लोकां कडेन चर्चा करात, आनी तुमचे रंग एकठांय तयार करात.


**कृती 3:** तुमी तयार केल्ल्या रंगांतल्यान वेगवेगळ्या रंग संयोजनांचो आराखडो आनी प्रयोग करात

**कृती 4:** तुमच्या कलाकृतींत वापरूं येता अशा रंगाचो विचार करात.

**कृती 5:** सैमीक रंग वापरून तुमची कलाकृती तयार करात.

दरेकल्यान आपली कलाकृती पुराय केल्या उपरांत, कलाकृतीचें वर्गांत प्रदर्शन करचें. तुमी वापरिल्ल्या साहित्याचें शिर्शक आनी तपशीलाचें तुमच्या कलाकृतीचेर लेबल लावचें.
तशेंच तुमी तुमच्या कामाची प्रक्रिया दाखोवपी तुमचीं कांय तयार रेखाचित्रां वा प्रयोग दाखोवंक वांटपाक शकतात. दरेकल्याच्या कलाकृतींत दिसपी प्रक्रिया आनी रंगांची चर्चा करची.

© NCERT not to be republished




## क्रिया 5: रंगांच्यो सया आनी छटा तयार करप

### रंगूय आमच्या मनस्थितीं भशेन बदलतात व्हय?

दिसभर तुमची मनस्थिती कशी बदलता तें तुमी पळयलां? पांच मिनटां तुमची मनस्थिती याद करून तांचे विशीं उलयात:

1. शाळा सोंपल्या उपरांत घरा वतना तुमचो मूड कसो आसता?
2. जेवणाच्या वेळार तुमचो मूड कसो आसता?
3. न्हिदचे पयलीं तुमचो मूड कसो आसता?
4. सकाळीं उठठकूच तुमचो मूड कसो आसता?
5. आतां तुमचो मूड कसो आसता?

मनस्थिती आनी भावना कांय काळ तिगून उरतात आनी ल्हव ल्हव बदलतात. त्यो बळिश्ट आनी तीव्र वा सौम्य दिसूं येता.

रंगूय तशेच आसतात. आमी तांकां जिवंत, तीव्र, काळसार, शुब्र, हलके, सौम्य करपाक शकतात... आदी.

सुर्योदय वा सुर्यास्ताच्या वेळार मळबांत रंग कशे बदलतात हाचो विचार करात.



कोयर कपड्या पसून केल्लो कोलाज

सुर्यप्रकाशाक लागून आनी परत परत धुयल्ल्यान आमच्या कपड्यांचे रंग काळांतरान फिकट पडटात तें तुमी पळयलां? ते तेजिश्टांतल्यान निस्तेज वा भडक सावन सौम्यांत बदलतात..

कलेंत रंगांतल्या ह्या विविधतायेक सया आनी छटा अशें म्हण्टात. खंयच्याय रंगाक धवो घालून आमी रंगीत सया तयार करतात. खंयच्याय रंगाक काळो घालून आमी रंगछटा तयार करतात..

**रंग + धवो = रंग सया**

**रंग + काळो = रंगाच्यो छटा**

© NCERT not to be republished





*रंगीत सया आनी छटा तयार करप*

## सराव करूया !

**साहित्यः** काडपाक आनी रंगोवपाक सादो कागद (उदकाचे रंग, पोस्टर रंग वा चुर्ण रंग) – काळो, धवो आनी दोन वा तीन हेर रंग.

**पर्यायः** पोरन्या दिसाळ्यांतल्यान वा नेमाळ्यांतल्यान रंगीत पानां घेवन कागदाचें मोझेक तयार करपा खातीर रंगांच्यो वेगवेगळ्यो छटा आनी सया सोदून काडात.

## निसर्गाची रंगपाटी

निसर्गांतले तरेकवार रंग पळोवन तुमकां केन्ना अजाप जालां ?

भायर वचून तीन वेगवेगळ्या छटा वा रंगांचीं तीन पानां सोदात.

तुमकां दिसपी सगळ्यांत लागींची छटा मेळोवपा खातीर वेगवेगळे रंग एकत्रीत करपाचो यत्न करात.

## विस्तार – छटा आनी सयेचे नकाशे तयार करप

संदर्भ म्हूण तुमी तयार केल्ले रंग छटा आनी सया वापरात. वस्तुसंग्रहालयाच्या संकेतथळावयल्यान वा सचित्र पुस्तकांतल्यान कलाकृतींचीं चित्रां सोदून काडात जांच्या चित्रांनी समान रंगाचे सया आनी छटा आसात. टिंट वा छटा कलाकृतीची मनस्थिती आनी भावना कशी वाडयतात हाचें निरीक्षण करचें. ही क्रिया चार ते पांच वेगवेगळे रंग, आनी तांचे छटा आनी सया घेवन परत करची. रंग सया आनी छटा वांगडा तुमी अणभविल्ल्या मनस्थितीचें आनी भावनांचें ल्हानशें वर्णन नोंद करात.



© NCERT not to be republished


## क्रिया 6: कलाकारांनी वापरिल्लीं पृश्ठां आनी साहित्य




निसर्गा पसून रंग तयार करूं येतात हें तुमी शिकल्यात. कागदाचो सोद लागचे पयलीं खडप, लेण्यांच्यो वण्टी, माडाचो प्लास्टर, ताडपत्रां, लाकूड, कपडो ह्या सैमीक पृश्ठभागांचेर कलाकार रंगकाम करताले.



तशेंच टेराकोटा, फातर, जनावरांचें हाड, चामडें, लाकूड, धातू आनी तंतू हांचोय उपेग करून तांणी तरेकवार त्रिमितीय वस्तू आनी शिल्पां तयार केलीं.



तांणी खाशेलीं साधनां सोदून काडलीं आनी दरेक साहित्य आनी पृश्ठभागा वांगडा काम करपा खातीर तंत्रां विकसीत केलीं.



तुमचे कडेन कागद नाशिल्लो जाल्यार तुमी तुमच्या कलाकृती खातीर खंयचे पृश्ठभाग आनी साहित्य वेंचून काडटले? स्वता प्रयोग करून आपली कलाकृती तयार करात.




सकयल दिल्ल्या पानांतल्यो देखी पळयात. इतिहासा आदल्या काळा सावन कलाकारांनी वापरिल्ल्या तरेकवार साहित्य आनी पृश्ठभागा विशीं तुमी जाणून घेवंक शकतात.

© NCERT not to be republished

खडपाचो पृश्ठभाग

धर्तरेचे रंग






भीमबेटका

फ्रेस्को सरफेस

धर्तरी आनी खनीज रंग





अजिंठा लेणी

पानांचो पृश्ठभाग

सैमीक रंग






सुकें ताडाचें पान

भिंत, माळयेचो पृश्ठभाग

तांदळाचें पीठ, मातयेचे रंग





कोलम

कपड्याचो पृश्ठभाग

सैमीक रंगद्रव्यां





कलमकारी



## क्रिया 7: सैमा कडल्यान म्हजी प्रेरणा

कलाकार आपल्या वातावरणाचें बारीकसाणेन निरीक्षण करतात आनी बारीक सारीक म्हायती घेतात हें तुमकां खबर आसा. दरेक कलाकाराची स्वताची कल्पनाशक्ती आसता आनी ते वापरतात त्या साहित्यांत, साधनांनी आनी तंत्रांत स्वताची निवड करता. हाकाच लागून तांचें काम आगळेंच जाता.

कलाकारा भशेन आपूण स्वताची कल्पनाशक्तीय वापरूंक शकता. स्वताच्या विचारांक योग्य आशिल्लें साहित्य आनी साधनां तुमी वेंचूंक शकतात. निसर्ग ही तुमची प्रेरणा आनी तूं निर्मातो. तुमचे स्वताचे अणभव आनी निरिक्षणां आसपावीत करात.

तो दोंगर वा न्हंय वा सूर्य आसचो न्हय. तुमचे खातीर निसर्गाचें प्रतिनिधित्व कितें करता तें तुमी थारायतात. तुमच्या लागसारच्या भोंवतणच्या वाठारांतल्यान तें कितें तरी चड लागींचें आसूं येता. याद दवरात, चित्र तुमच्या दोळ्यांतल्यान आसपाक जाय!



© NCERT not to be republished